# राष्ट्रीय एकता दिसा निमतान परिसंवाद

ता. 30 ऑक्टोबर 2018
8 कार्तिक 1940

31 ऑक्टोबर हो दीस सर्गेस्त सरदार वल्लभभाई पटेल हांचे जयंती निमतान देशभर राष्ट्रीय एकता दीस म्हूण मनयतात. ताचोच एक भाग म्हूण राजभाशा संचालनालयान परिसंवाद घडोवन हाडला. परिसंवादाची कार्यावळ सांखळेच्या सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालयांत 31 ऑक्टोबर 2018 दिसा सकाळी 9.00 वरांचेर जातली. ही कार्यावळ महाविद्यालयीन विद्यार्थी तशेंच हेर लोकांखातीर आयोजित केल्या. ही कार्यावळ सगळयांखातीर उक्ती आसतली.

राष्ट्रीय एकता दिसाचो सोपूत घेवन कार्यावळीक सुरवात जातली. उपरांत नामनेचे इतिहास अभ्यासक आनी समाज वावुरपी श्री. प्रजल साखरदांडे विविधातयेतल्यान एकता हया विशयाचेर उलोवप करतले.

हे कार्यावळीक लोकांनी व्हडा संख्येन हाजीर रावचें अशी मागणी राजभाशा संचालनालयान केल्या.

मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1622